१५-१२-२०२५

सकाळी – ७.२५

प्रादेशिक खबरो

उजो चवकशी 110

बर्च बाय रोमिओ लेन दुर्घटना प्रकरणी अधिकारी तशेच हेर संबंधीतांची चवकशी दंडाधिकारी चवकशी समितीतर्फे सुरू आसा. दंडाधिकाऱ्यांच्या समितीन हडफडेचे सरपंच रोशन रेडकार तशेच जमनीचे मूळ धनी प्रदीप घाडी आमोणकार तशेच सुनील दिवकार हांची चवकशी केल्या. कागदपत्रां तशेच परवान्यांची पडताळणी आनी संबंधीतांची चवकशी सुरू आसा. संबंधीतांच्या चवकशेक लागून अहवालाक थोडो कळाव जातलो, अशी म्हायती दंडाधिकारी अंकीत यादव हांणी दिली. निलंबित जाल्ल्यो प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्यो तेन्नाच्यो वांगडी सचीव शमिला मोंतेरो हांची लेगीत चवकशी जाल्या. हडफडे हांगच्या बर्च बाय रोमिओ लेनीक फाटल्या शनवारा राती उजो लागून 25 जाणाक मरण आयिल्ले. हे घडणुकेक 8 दिस पुराय जाल्या. घडणुकेचे दसरेच दिसा मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दंडाधिकाऱ्यामार्फत चवकशीचे आदेश दिल्ले. हे प्रमाण दंडाधिकाऱ्यां कडल्यान चवकशी सुरू आसा.

गोंय मुक्ती दीस

160

राज्यांत गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाची तयारी नेटान चालू आसून राज्य पांवड्यावयलो गोंय मुक्ती दीस सुवाळो  ता. 19 डिसेंबर 2025 दिसा सकाळी 9.15 वरांचेर ताळगांव पठारावयल्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर हॅलीपॅड वाठारात जातलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सुवाळयात राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन संचलनाची पळोवणी करतले आनी मानवंदना दितले. उपरांत गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण करतले.राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळयाक मंत्रीमंडळातले वांगडी, आमदार, उच्च न्यायालयाचे न्यायाधिश, एडव्होकेट जनरल, सरकारी सचीव, अधिकारी हजर रावतले.राज्य पांवड्यावयल्या गोंय मुक्ती दीस सुवाळयात शाळांची भुरगीं सांस्कृतिक कार्यक्रम सादर करतली.भौशीक बांदकाम मंत्री श्री. दिगंबर कामत राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले जाल्यार फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर जावपी मुक्ती दीस सुवाळयात वीजमंत्री श्री. सुदिन ढवळीकर राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबयतले.त्याच वांगडा तालुका पांवड्यावयल्या  मुक्ती दीस सुवाळयात म्हापशें हांगा  पर्यटनमंत्री श्री. रोहन खंवटे, वास्को हांगा येरादारीमंत्री श्री. माविन गुदिन्हो, काणकोणा कला आनी संस्कृती मंत्री श्री. रमेश तवडकर, पेडणे हांगा नुस्तेमारीमंत्री श्री. निळकंठ हळर्णकर, सांगे समाज कल्याणमंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय,  केपे हांगा उदकास्त्रोतमंत्री श्री. सुभाष शिरोडकर, दिवचले आमदार श्री. प्रेमेंद्र शेट तिरंगो बावटो हुबयतले.

विज्ञान

महोत्सव

विज्ञान, तंत्रज्ञान खाते आनी गोंय कोयर वेवस्थापन म्हामंडळाच्या जोड पालवान अंदूचाे सातवो सर्गेस्त मनोहर पर्रीकार विज्ञान महोत्सव अंदू 18 डिसेंबराक 9 थळांचेर जातलो. विद्यार्थ्यां खातीर 9 थळांचेर वैज्ञानिकांची व्याख्याना जातली. सकाळी णव ते दनपार देड मेरेन कार्यावळ जातली.

विद्यालयीन, उच्च माध्यमीक तशेच म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यां खातीर कार्यावळी जातल्यो. आदले मुख्यमंत्री तशेच देशाच संरक्षण मंत्री मनोहर पर्रीकार हांची जयंती 13 डिसेंबराक जाली. तांचे जयंती निमतान दर वर्सा विज्ञान महोत्सव जाता. मुखेल कार्यावळ एनआयओच्या सभाघरात जाता. निवडक शीक्षण संस्थेच्या विद्यार्थ्यांक महोत्सवात वाटेकार जावपाक मेळटले.

नॅशनल इन्स्टीट्यूट ऑफ ओशिओनोग्राफी, मनोविकास हायस्कूल (मडगाव), जीव्हीएम दादा वैद्य कॉलेज ऑफ एज्युकेशन (फर्मागुडी), सरकारी म्हाविद्यालय (केपे), हरमल पंचक्रोशी विद्यालय (हरमल), रवींद्र भवन (कोणकोण), सरकारी म्हाविद्यालय (साखळी), बिटस पिलानी (जुआरीनगर) आनी गोमंतक विद्यालय (तिस्क) हांगा कार्यावळी जातल्यो, अशें शिक्षण खात्यान कळीत केलां.

हवामान –

राज्यात फाटले काय  दिस शियाचो कुडकुडो वाडत आसा. गोंय वेदशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण पणजे चडानचड तापमान 33.6 डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे 19 डिग्री सेल्सियस तशेच मुरगावा चडानचड 33.6 डिग्री सेल्सियस आनी उण्यात उणे 18.6 डिग्री सेल्सियस नोंद जाला. गोंय वेदशाळेच्या अदमासाप्रमाण फुडले तीन चार दिस फातोडेर मध्यम स्वरूपाचे धुके पडपाक शकता.

राश्ट्रीय शालेय जलतरण खेळा सर्त -

नवी दिल्लीत सुरु आशिल्ल्या 69व्या राश्ट्रीय शालेय जलतरण खेळा सर्तीत गोंयाक दोन पदका मेळ्ळयात. पूर्वी नाईक हिणे रुप्या पदक जाल्यार पूजा राऊळ हिणे काश्यापदक जोडला. १४ वर्सा सकयल्ल्या चलयांच्या २०० मीटर फ्रीस्टायल सर्तीत पूर्वीन पदक जोडले. पूजा राऊळ हिणे १७ वर्सा पिराय सकयल्ल्या गटात काश्यांपदक जोडले.

फिट इंडिया –

खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी काल खेळा संस्कृती घटमूट करपाच्या गरजेचेर भर दिलो. काल मीरामार हांगा फिट इंडिया संडेज ऑन सायकल ही भारत सरकाराची कार्यावळ जाली ते वेळार ते उलयताले. जायत्या युरोपियन देशानी सायकल चलोवप हो दिसपट्ट्या जिणेचो एक भाग कसो जालो हाची म्हायती तांणी दिली. हेवेळार तेलगूफिल्म अभिनेतो मंचू मनोज कुमार, अभिनेतो मोहम्मद अली, सुबेदा मनीश कौशिक आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.